# पोटवेंचणूकेखातीर खर्च मर्यादा

ता. 3 ऑगस्ट 2017

12 श्रावण 1939

वेंचणूक आयोगान पणजी आनी वाळपय पोटवेंचणूकेखातीर उमेदवार वा राजकीय पक्षांखातीर 20 लाख रूपया खर्च मर्यादा निश्चीत केल्या. वेंचणूकेखातीर उमेदवार आनी राजकीय पक्षांकडल्यान वापरपात येवपी साहित्य आनी वस्तूंच्या किंमतीची यादी उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयान तयार केल्या.